**Panaji National**

**Date : 25/02/2026** **6.30 PM**

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आयज बुलढाणा जिल्ह्यांतल्या शेगांवांत जावपी चार दिसांच्या राष्ट्रीय भलायकी मेळाव्याचें उक्तावण केले. आयुर्वेदांत आहार, दिसपट्टो नेम, हंगामी नेम, दुयेस आडावपा खातीर शास्त्रीय मार्गदर्शकी तत्वां दिल्यांत. आयुर्वेद, योग, आनी हेर आयुश पद्दती फकत दुयेसांचेर उपचार करपामेरेन मर्यादीत नात, जाल्यार हयो पद्धती भलायकी वेवस्थापनाचे शास्त्र आसात तशेच संवसारभर लोक ताण कमी करपाखातीर भलायकेन भरिल्ल्या जिणे पद्दती खातीर योग आपणायतात. आयुर्वेदीक उपचार आनी वखदांचो संवसारभर लोकांक फायदो जावपाक लागला अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलें.

वैजकी आयुश पद्दतींच्या एकठांय केल्ल्या गिन्यानाच्या दायजाचेर आदारीत संवसाराक भलायकेन भरिल्लो फुडार दिवपा खातीर फाटल्या दशकांत सरकारान केल्ल्या यत्नांचेर ताणी भर दिलो.

फाल्यां राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू चार दिसांच्या भोंवडेनिमतान झारखंडाक वतात. हे भोंवडेवेळार राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांच्या हस्तुकी कदमांत जगन्नाथ देवळाचो बुन्यादी फातर बसयतले.राष्ट्रपती द्रौपादिऊ मुर्मू जमशेदपूराच्या बरिडीहांत जावपी मणिपाल टाटा वैजकी म्हाविद्यालयाचे इमारतीचो भूमिपूजन सुवाल्यांत वाटेकार जातली.

इझ्राएलाक केल्ल्या भेटींतल्यान रणनिती भागीदारयेचे नवे लक्ष्य थारतले आनी दोनूय देशां मदीं नातें वाडटलें अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी सांगला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सकाळीं दोन दिसांच्या इझ्राएल भोंवडेक सुरवात केली. इझ्राएलाक ताची ही दुसरी भोवंडी. हे भोवंडेवेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी इझ्राएल समकक्ष बेंजामिन नेतन्याहू, हाणी भारतांत जाल्ली म्हत्वाची प्रगती तशेच इझ्राएल रणनिती भागीदारीचो नियाळ घेतले.

पीएम ई ड्रायव्ह येवजणे खाला आतां मेरेन 28 लाखां परस चड इलेक्ट्रीक गाडयो विकल्यात अशें केंद्रीय उद्देग मंत्री एच. डी कुमारस्वामी हांणी आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या इलेक्ट्रीक वाहनां विशींच्या तिसऱ्या भारतीय वाणिज्य आनी उद्योग मंडळांच्या महासंघाच्या राष्ट्रीय परिशदेक मार्गदर्शन करतना सांगलें.

विकील्ल्या वाहनां मदीं 20 लाखां वयर इलेक्ट्रीक दोन चाकी आनी सुमार 3 लाख तीन चाकी वाहनांचो आस्पाव आसा.
तशेच मुखेल शारांनी 14 हजारां वयर इलेक्ट्रीक बशींक मान्यताय दिल्ल्यान भौशीक येरादारी विद्युतीकरणाकय गती मेळ्ळयां, व्हड प्रमाणांत ईव्हीचो आस्पाव जाल्ल्यान शारांतल्या हवेचो दर्जो सुदारता, देशी उत्पादकांक धोरणाची सातत्यताय सुनिश्चीत जाता अशें कुमारस्वामी हांणी नदरेक हाडले.

जिनीव्हांत निशस्त्रीकरण परिशदेच्या 2026 वर्साच्या उचेल्या मळावेल्या विभागांक मार्गदर्शन करतना संवसारीक अनिश्चितताये मदीं लश्करी कृत्रीम बुद्धिमत्तेचो जापसालदारकेन वापर करपाच्या भारताच्या वचनबद्धतायेचेर विदेश सचीव विक्रम मिश्री हांणी भर दिला.

संरक्षणांत विस्वासपात्र एआयची मोलावणी करपा खातीर भारतान देशांतलो मार्गदर्शकी आराखडो तयार केला, जो विस्वासपात्रताय, सुरक्षीतताय आनी पारदर्शकतायेचेर आदारीत आसा अशें तांणी सांगलें. अणुशस्त्रां संबंदीचे निर्णय मनशाच्या नियंत्रणा खाला उरतले अशेंय तांणी मुखार स्पश्ट केलें.

आयज कोलंबोच्या आर प्रेमदास स्टेडियमाचेर आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वकरंड सर्तींत न्यूझीलंड श्रीलंके आड खेळटलो. हि सर्त सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातली.

काल रातीं श्रीलंकेच्या पल्लेकेले आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत जाल्ल्या गट दोन सुपर 8 सर्तींत इंग्लंडान पाकिस्तानाक दोन विकेटींनी हारयलो.

फुडल्या 7 दिसांत वायव्य भारताचेर चडांत चड तापमान ल्हव ल्हव 3 ते 5 अंश  सेल्सियस वाडतले. तशेंच फुडल्या 4 दिसांत मध्य आनी उदेंत भारताचेर चडांत चड तापमान दोन ते तीन अंश सेल्सियस वाडटलें असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.
मजगतीं, फाल्यां मेरेन छत्तीसगडात गडगड आनी जोगलां संयत पावस पडपाची शक्यताय  आसा
तशेंच शुक्रारा आनी शेनवारा जम्मू-काश्मीर, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडात हलको पावस वा बर्फ पडपाचो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले - फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर